# संवसारीक एड्स दीस मनयलो

ता. 1 डिसेंबर 2017
10 मार्गशीष 1939

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेन आयज पर्वरी सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात आयोजीत राज्य पावंड्यावयल्या कार्यक्रमात संवसारीक एड्स दीस मनयलो.

म्हजी भलायकी, म्हजो हक्क अशी ह्या वर्साच्या संवसारीक एड्स दीसाची संकल्पना आसा.

कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक हांणी गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेन भलायकी सेवा संचालनालय, गोंय वैजकीय महाविद्यालय आनी बिगर सरकारी संस्थांच्या सहकार्यान केल्ल्या एड्स सर्वेक्षण अहवालाचेर समाधान उक्तावन गोंय राज्यात एड्स दुयेंतीची संख्या कमी जाल्या आनी एड्स दुयेंतींचो आकडो रोखडोच शुन्याचेर येतलो, अशें सांगले. एड्स रोगाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर भलायकी शिक्षण आनी जाग्रुतीचेर भर दिवपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. जुजे डिसा, संस्थेच्या गाभो समितीचे अध्यक्ष डॉ. दिगंबर नाईक, भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी हेवूय ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

वैजकीय अधिकारी डॉ. उमा सडेकर आनी आशा वेर्णेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. चंद्रकांत परब हांणी निमणे उपकार मानले.